गीतसरोवर



शरतचंद्र शेणै

Disha Institute of Konkani
Palluruthy, Kochi - 682006

गीतसरोवर

मांडावळ

भारतभूमी	3	धागो	18
भारतदेश	4	नन्दना	19
प्रार्थन	5	वैष्णवजन	21
जागरण	6	आनंदनटन	22
कोंकणीची सर्शि	7	वसंत नर्तन	23
देवी मंदिर	8	मेट	24
स्मृत्यष्टक	9	नवें फालें	25
जनहृदयांचो अधिपु	10	भारतनारी	26
खंय सोदीता	11	रामनाथु विराजता	27
दी दर्शन	12	ईश्वरविश्वासु	28
राक देवा	13	फुला	29
अक्षरार्चन	14	राधा - कृष्ण	30
गिरिधारि	15	घराकडे	32
साक्षात्कार	16	एक दोनि तीनि	33
देवु बेस्सला हृदयांतूं	17		

शरतचंद्र शेणै

भारतभूमी

गीतसरोवर

धन्या तूं जननी पुण्यभारतभूमी!

सहस्राब्दांचें उज्वल चरित तुगेलें
स्वार्थ सर्वय सोणु पूर्विकांनी रचिल्लें (धन्या..

रान रूक रेंव न्हय तूं आवसु आमगेली
सान होड ना तुका तूं समस्तांगेली (धन्या..

आट दिकांनी तुजी कीर्ति व्यापली
अभिमानान आमचीं अंतरंगां फुल्ललीं (धन्या..

चरणकमलांचेर कोटि नमन करतायी
अमर तुगेलें नांव नित्य स्मरण करतायी (धन्या..

- *Audio available at this link: https://youtu.be/Jpy5Sqt7Q0w*

शरतचंद्र शेणै

भारतदेश

भारताचे भुंयचेर जन्मल्लीं आमी धन्य गा
भास भेस वर्ण धर्म कितली विविधताय गा
भाताशेत भाट आनी रान पाचवेंचार गा
भागीरथी कावेरी संस्कृताय आमची गा

रगत भारतीयांचें एक म्हूण वळख गा
रडणें आनी हांसो लेगीत सारके सारके वांटे गा
रस्तो म्हजो तुजो एक, लक्ष्य तेंय एक गा
रत्न तुजे भितर आसा सोब ताची दाकय गा

तत्व बरें धरि गा, हातां हात जोडि गा
तरणें आमी पोरण्यांचो उडगास करचो गा
तळमळून मेकळेपण घेतलें जिखून तांणी गा
तन मन धन ओंपून राज्य राखलें तांणी गा

देश म्हणचें घर गा, शाळ गा, देवळ गा
देशभक्ति म्हणची देशभावां कडलो मोग गा
देहांभितर देही जे मेरेन जिती बसची गा
देशभक्ति भारताची ते मेरेन धरची गा

शरतचंद्र शेणै

शत्रु आमचे भितर गा, शक्ति तीय भितर गा
शस्त्रां सोडून शास्त्र जोडची बुद्धि बी भितर गा
शतसहस्र वर्सांची गाथा भारताची गा
शतसहस्र वर्सांक एकमेळीन गांवची गा

प्रार्थन

नमन तुका देवा शरण तुका
प्रथम स्मरण तूंचि आमकां

परमबंधू तूं परमसखा
राकता आमकां तूंचि सदा

ध्रुवतारक तूं वाट दाक्कयता
तुजे स्मरणेन माया निसरता

एक मनान करताय प्रार्थन
सार्थक जीवन तुजे भक्तीन

शरतचंद्र शेणै

जागरण

जाग कोंकणी, नीद सोणु उट्टा तूं
फाल्लें जाल्लें संत दोळे विस्कळाय तूं

काडली नीद केद्दी होडी, आनी उट्टा तूं
कालचो दीसु कालची राति सरली, चोय तूं
काळूकू एद्दोळचो नाका मनांतूं
जीवाळो एद्दो हाडि तुजे आंगांतूं (जाग..

परजताचीं फुल्लां गांवु परमळायताय
पाल्ले पाती हर्षाचे अश्रु गळयताय
पारवे घुंरगुरेवनु पाकां फडफडायताय
पावलं दवोरनु बालकिरणां येताय (जाग..

जीवरक्षणाक धांवु तूवें केल्लोलो
गांवु गांवु तुगेलो संचारु जाल्लोलो
ओमको ओमको दिक्कु ना, फुटल्ली आंकूरी
आमची भास तशी जाल्ली देशांतरीं (जाग..

उद्देलें नवें फाल्लें तुजे खातीरी
निद्देचे दोळे विस्कळाय आयचेरी
दीसु हो तुका नवें जीवित दिवंचो
दीसु हो आमकांय नवें जीवित दिवंचो (जाग..

- *Audio available at this link: https://youtu.be/zuB6kD1126A*

कोंकणीची सर्शि

आमचे पूर्विकांक आमी नमन करूया
कोंकणीची सर्शि, भावा, आमी शिंपुया -

पूर्विकांनी राकून हाडली
मैदरांतु रोंपी वोयली
पुण्य तांचें आजि आमी स्मरण करूया
कोंकणीची सर्शि, भावा, आमी शिंपुया (आमचे..

घरा मुकार आमी खेळ्ळीं
घरा माक्षीं ती निपीली
तिजीं चंद फुल्लां वेंचून आमी गांथुया
कोंकणीची सर्शि, भावा, आमी शिंपुया (आमचे..

जीवितांतु जयु पावलीं
तिका सोणु दूरा गेलीं
तिजी अपुरबाय आमी आतां करूया
कोंकणीची सर्शि, भावा, आमी शिंपुया (आमचे..

कालि आमी हें विसरलीं
आजि तिजी स्मरणा आयली
पूर्विकांचें रीण चिके आजि पावोवया
कोंकणीची सर्शि, भावा, आमी शिंपुया (आमचे..

देवी मंदिर

भाषादेवी दिव्य तुगेलें मंदिर
पुनः आजि तें करताय आमी सुंदर

स्वयंसेवा ही करताय अति उत्साहान
तव चरणांचेर अचल अर्पित मनान
पुण्यकार्य हें करताय आमी विनयान
पूज्य आमगेले पूर्वजांचे उडगासान (भाषा..

मंदिरांतुली मूलप्रतिष्ठा पुरातनी
भाषादेवी, सत्वज्ञान प्रदायिनी
जन्मभूमिचे गळ्यावयरी तूं शुभंकरी
सरस्वती तूं अमोल आमची प्रियंकरी (भाषा..

भक्तांले करसेवेचो करी स्वीकारू
मंदिराचो मू घडून आसा पुनरुद्धारू
मुखरित जाता दिगंतरांतू जयकारू
विस्मयु दिता कलाकृतीचो गोपुरू (भाषा..

करसेवेची घेतली दीक्षा हर्षान
फुडार्यांनी दाकोवनु दिलेल्या मार्गान
आशिर्वादु जाय तुगेल्या हातान
पळय आमकां तूं सदैव मायेमोगान (भाषा..

स्मृत्यष्टक

सत्राव्या शतकांतु आशिल्ले तेग वैद कोची देशाचे
रंगभट्टु, विनायक पंडितु आनी आपूभट्टु नांवांचे

तेगांनी तान्नी मान्य केलें कुमुदोराचें सांगणें
महायत्नांतु मनान बुड्डले आमचे पूर्वज कोंकणे

सकाळीं सांज केलेलें काम क्रमान फलादिक जालें
दोनि वर्षांचे अखंड यत्नान विज्ञानभांडार एकठायलें

स्वाभिमानि ते तेगांनी दिलें कोंकणीन तांचें साक्ष्य
वृक्ष वालि आदींचीं नांवां स्वभाषेन बरयलीं समस्त

देश विदेशांतु विख्यात जालें तें मलबाराचें उद्यान
बारा पुस्तकांतु भरून आशिल्लें वनस्पतींचें विज्ञान

शतकां दांटवलीं, चरितां घुसपलीं, तेग ते विस्मृत जाले
स्वर्ण अक्षरांक अर्ह विज्ञ ते आमकांय अज्ञात जाले

महाकार्य करूक पावले ते महामनीष हें परमार्थ
महाविस्मृतींतु निपले तरी ते जीण आमची रे व्यर्थ

आमच्या पूर्विकांक आमी वळखुया नमन तांकां करूया
भारतचरितांतु ह्या तेगांकय चिरप्रतिष्टा दीवूंया

जनहृदयांचो अधिपु

जनहृदयांचो तूं अधिपु
तुका म्हण्टाय आमी जयजयतु

जगवंदितु जनपूजितु
जढजंगमांतु तुजो वासु (जन..

तुगेले कृपेंतु पूर्वादिपश्चिमु
तुजेचि दयेंतु उत्तरदक्षिणु
सूर्यप्रभेंतु तुगेलो प्रभावु
चांद्रशीतळु तुजो मंदहासु (जन..

भूतल मेरु नभ आनी सागरु
रचिता सर्व तूं रचणारु
जिह्वाग्रे तुजो जयजयकारु
जीवाक तूं एकु आधारु (जन..

खंय सोदीता?

अत्भुत रूप तुजें सोदीता
तो सगळें जीवन तें सोदीता!
तुका दिकता जो सर्वांतूं
तो शांत मनान जीवन काडता!

तूं दूरा खंयतरी मळबांतूं - म्हणु
तेल सुयता दोळ्यांतूं!
तूं मौन बेसला देवळांतूं - म्हणु
भजन करी तुजे दारांतूं! (अत्भुत..

तूं प्रसन्न जाता भक्तीन - म्हणु
करता अर्चन पूजन!
तूं दर्शन दिता भक्ताक - म्हणु
दाकयता नीरांजन! (अत्भुत..

तूं व्रतनिष्टेचो इष्ट म्हणून - करि
उपवासाचें अनुष्टान!
तूं हवनप्रिय म्हणु सांगूनू - करि
होमु आनीक धनदान! (अत्भुत..

- *Set to the tune of an old Hindi film song.*

दी दर्शन

गोविन्द तूंचि गिरिधारी
मनमोहन तूंचि मुरारी
तूं धरता अनेक रूप
दी दर्शन तें अप्रूप -

शैशवाची लीला पळोवनु
ती याशेदि विस्मयु पावली
गोपीजन मुनिगण सर्वय
अतिशयान हर्षित जालीं (तूं..

कौमार तुगेलें धन्य
देवकीलें जन्मा पुण्य
पालन तूं करता प्रधान
अवतार नियोगु वरेण्य (तूं..

यौवनांतु तूं युगपुरुषु
सद्गुण धर्मांचो अधीशु
रक्षिता हो भारत देशु
गीतेचो महदुपदशु (तूं..

- *Set to the tune of an old Hindi film song.*

राक देवा

राक देवा, तूं एकु आश्रयू
शरण पांवतां तुका, सोणु संशयू

हांव हांव म्होणु गर्वु घेत्तना
नांव तुगेलें जिबेरि आयलेंना
दामु कीर्ति सोदून गांवु भोवंतना
सामकी वाटेन पावल गेल्लेंना (राक..

पावली सांज आतां, देह हें खरशेलें
पावला-पावलाक कांटे मू तोप्पले
पोल मू दामु कीर्ति, हें समजलें
मोल्लाचें एक तें नांव तुगेलें (राक..

('देवदूत' नाटकांतुलो गींत)

• *Audio available at : https://youtu.be/jCajDRGnzxY*

अक्षरार्चन

गीतसरोवर

दोळ्यांचे दीवे तुजे मुकारि लायतां
उतरांचीं फुल्लां तुका नित्य अर्पितां

कळाकळी येत थाकून तुका सोदीतां
धीरु तुजो ना जाल्यारि पावल लक्कता

सुख-दुःख जीवितांतूं तूंचि विर्किता
सहजपणान घेवंचे खातीर शरण हांव तुका

कर्मांचें फल एक एक भोगितां
धर्माचो मार्ग दाकय, इतलें मागितां

भवसागरु तरण करूक शक्ति दी माका
जनिमृतीचे चक्रां थाकून मुक्ति दी माका

शरतचंद्र शेणै

गिरिधारि

गीतसरोवर

गिरिधारि तूं मिजो तारकु
माका तूं विना ना आश्रयु

हृदयांतु झोडु जो उठतना
मन अश्रुवर्षु गळयतना
गिरिधारि तूं मिजो तारकु
माका तूं विना ना आश्रयु

नभ कल्मषांनी निपयतना
घन अंधकारु पसरतना
गिरिधारि तूं मिजो तारकु
माका तूं विना ना आश्रयु

जोगुलांचें तांडव वाढतना
मळबाचो क्रोध भिवयतना
गिरिधारि तूं मिजो तारकु
माका तूं विना ना आश्रयु

- *Set to the tune of an old Hindi film song.*

शरतचंद्र शेणै

साक्षात्कार

ना ना म्हणून तुवें तागेलो निषेध करतना
नानास्वरूपान प्रकट जाता तो तुजे मनां
एकेक अदृष्टाच्या संकष्टा वेळारी
धीरु दिता एक ज्येष्ट भावा वरी
दुःख आयलें तरी, दोळे भरले तरी
सांत्वनं वर्षिता आत्ममित्रा वरी
संतोषा दिसांच्या खेळा हासांतूं
वांटो घेता तरण्या भुर्ग्याबाळां वरी
भाग्य उदेतना उन्नतींतू तुजे
हर्ष पांवता मरे अम्माबप्पा वरी

ना ना म्हणून तुवें तागेलो निषेध करतना
नानास्वरूपान प्रत्यक्ष जाता तो तुजे मनां
दुसर्यांल्या दुर्घटांत हातु सहायाचो
मुकारि करूक स्फूर्ति दिता तुका
मित्र बंधूंगेले भाग्यांतु संतोषु
पांवचें होळ्ळें एक हर्दें दिता तुका
कूडें चिकूणु बरें आपणावूंक
सूक्ष्म विवेकाची बुद्धि दिता तुका
लोका समुद्रांतूं बुडूक वतना
पोंवचे खातीर दृढ मन्न दिता तुका

देवु बेस्सला हृदयांतूं

गीतसरोवर

देवु बेस्सला हृदयांतूं
सोदीतल्ल्याचे दोळ्यांतूं
चेत अचेत सर्वांतूं
परिमळु कशी रे फुल्लांतूं!

देवळां कितूलीं भोंवलो तूं?
तीर्थां कितूलीं न्हाल्लो तूं?
तृप्ति जाल्लीना तान सरलीना
तप्तमनांतूं शांती मेळ्ळीना (देवु..

दीवो दवरलो, दिवली लायली
अर्चन आंगवण तूवें पांवयली
नोपूरो नोपूरो रडता अंतर
दिसता कपाल रित्तें ताट्टर (देवु..

हवनां करयता व्रतां धरता
जन्मु वृथा म्हणु हुसकेता
खंयि तो म्हणु तूं सोदीता सोदीता
तुजे भितरि बेसून तो हासता (देवु..

शरतचंद्र शेणै

धागो

गीतसरोवर

सोड्डूनाका रे तूं तो धागो
त्या धाग्याच्या ह्या तलवारी
उबता उबता सोरंगो!

खेळता नांचता द्रुत द्रुत ताळारी
अशी तशी कुद्दता वांकुडा वार्यारी
इच्छा तुजी, संतोष तुगेलो,
तुजेचि आनंदाक नांचता सोरंगो (सोड्डूनाका..

आपयताय ताका मेघ मळब
उल्लो मारताय सदा सवर्णीं सुलभ -
सृष्टी तुजी, संकल्प तुगेलो,
तुगेलेचि तृप्तीक नांचता सोरंगो (सोड्डूनाका..

आश्रयु धाग्याचो, असुलभ भाग्याचो
ताचे विना नष्ट रे जन्मु पतंगाचो
वेष्टिला हरद्याक धागो मोगाचो
तुटत म्हणून भितर उजो संदेहाचो (सोड्डूनाका..

- *पतंग आपूण म्हणून आनी ताचो धागो दैवभक्ती म्हणून कल्पना.*

शरतचंद्र शेणै

नन्दना..

जशी बाल्य-कौमारांतु तरुण आयुष्यांतु
मेळ्ळेली आवसूली माया
तशी हे जीणेचे त्रासा प्रवासांतु
मिजेरी तुगेली दया, नन्दना..

लक्ष्य नातिल्लें क्षुद्र हें व्हडें
हेकडे तेकडे भोंवल्यां
उव्वारा उदकांतु धाडवून घुवळून
दुर्बल ताट्टर जाल्यां
हें व्हडें एक अदृश्य हातान
सुरक्षित तडी लागयल्यां
अशी हे जीणेचे त्रासा प्रवासांतु
मिजेरी तुगेली दया, नन्दना..

उग्र तापाचे उष्णभुंयेन पावलां
हीं दोनि जळयल्यां
हुम्मेन तिमल्ल्या आंगान पायान
दीर्घ प्रयाण माडयल्यां
मध्याह्ना वोतांतु तापूच्या आंगाक
रुकांची सावळी निवयता
तशी हे जीणेचे त्रासा प्रवासांतु
मिजेरी तुगेली दया, नन्दना..

गीतसरोवर

अठंग्या वनाच्या एकटेपणांतु
काळखी ही जीण धिंगुळल्या
पर्वत दोंगर चडता आनी देंवतां
आयुष्य मस्त सरयल्यां
तानेक जलपात्र मागलेल्याक थेट
अमृताचो कुम्भ पावयला
तशी हे जीणेचे त्रासा प्रवासांतु
मिजेरी तुगेली दया, नन्दना..

(आधारः एक हिन्दी भजन)

शरतचंद्र शेणै

वैष्णवजन (मूल : नरसी मेहता)

वैष्णवजन म्हण्टाय तांकांच जे
वेगळ्यांली व्यथा जाणा रे
परदुःखांत उपकार करी तरी
मनीं अभिमान धरीनाय रे

सगट जनांक नमन करताय
निंदा कोणाचीय करीनाय रे
जीब देह मन करून नियंत्रण
करी जननीक धन्या रे

समदृष्टीन तृष्णा त्यजून
परस्त्रीक आवय मानताय रे
जिबेक असत्या रुचि ना तनिक
परधनाक हात लायनाय रे

मोहमायेंत फसूनातीलें
मनीं दृढवैराग धरताय रे
रामनाम सदा जपून मनांत
पुण्यतीर्थ करी तनूक रे

लोभ त्यजून आनी कपटरहित राबून
काम क्रोध सोडून उरल्याय रे
नरसी म्हणता हरिकरुणेन तांचे
कुलाक मोक्षमार्ग मेळचो रे

आनंदनटन

आनंदनटन चिदानंदनटन
नंदनंदन नटन !
काळिंदीगमन काळीयदमन
नंदनंदन नटन !

गोपजन करि नर्तन
जय जय जय घोषण
सुंदर वदन दर्शन
मंदस्मित भूषण !

रूप तें मनमोहन
दृष्टी कृपाकिरण
देहान नमन मनान नमन
शरण शरण चरण !

आनंदनटन चिदानंदनटन
नंदनंदन नटन !

वसंत नर्तन

गोकुलांतूं पावलो वसंतू - फुलां सुगंधू
गोपगोपीकांक आनंदू !
नंदबाळू मदें राबुनू - करताय नांचू
सुंदर तें दृश्य उत्सवू !

नीलवर्णा देहकांती
मंदहासांत भरल्या प्रीती
वेणुवादन दिता शांती
म्हणूंया कृष्णाची कीर्ती !

गोकुलांतूं पावलो वसंतू - फुलां सुगंधू
गोपगोपीकांक आनंदू !

बालकृष्णा, नर्तन करी
भक्ती आमचे भितर भरी
दृष्टी आमचेर सदा दवरी
आमकां उद्धारी वयरी !

गोकुलांतूं पावलो वसंतू - फुलां सुगंधू
गोपगोपीकांक आनंदू !

- *Set to the tune of a traditional Malayalam 'Tiruvathira' Song*

मेट

पावला मुकार जें कसलें तुका
विघ्न कशी दिसता
तुजे बरेपणाक देवान रचिल्लें
मेट मू तें आसता!

धीर करून आनी माथें उबारून
चल तूं मुकार मुकार
मेटां चडून चलून मुकार
सपनां करी साकार!

भियेनाका तूं थांबूनाका
धरी देवाचो विश्वासू
धरी शुभाप्तिविश्वासू आनी
करी स्वताचो विश्वासू!

गीतसरोवर
शरतचंद्र शेणै

नवें फालें

जालेलें जालें जावनु गेलेलें
सोडि रे तें सगळें!
आजि उदेलें नवें फालें
आयचें कार्य वेगळें!

कालि केलेलें कालच्यान जालें
हात निवळ केले
आजि उदेलें नवें फालें
हात तयार जाले!

फाल्याचें सर्वय फाल्याक सोडि
कळता ताचें कसलें?
कार्य फाल्याचें वायट की बरें
सांगू जायना तसलें!

आजि आजीचें कार्य जें केलें
जालें बरें तितलें
दीसु गळूनु राति पावंतना
थंड मन तितलें!

गीतसरोवर
शरतचंद्र शेणै

गीतसरोवर

भारतनारी

जयतु जयतु भारतनारी!
अभिमान तुज्या नांवांरी

गंगा यमुना तीर्थ समान
घर घर करता तूं पावन
नवयुग रचनेक अनन्य दान
करूंया आमी तिगेलें नमन

घराची दीप्ती, कुलाची कीर्ती
पुजूक योग्य तुगेली मूर्ती
आमच्या पुराण इतिहासांनी
तुका दाकयल्या पंचारती!

विद्या विज्ञान कला प्रवर्तन
धीर निर्भय जनता सेवन
भारतनारी, तुगेलें जीवन
समस्तजनांक सदा प्रचोदन!

तिका वळखुया!
मानु दीवूया!
मोल जाणूया!
कीर्ती म्होणूया!

भारतचंद्र शेणै

रामनाथु विराजता..

गीतसरोवर

रामनाथु विराजता कुलदेव संकुलांतू
नाम जपून नमन कोर्या भव्य मंदिरांतू

कुलावी सर्वय आमी एक मेळनु भजुया
कुलदैव आराधना एक मनान कोर्या (रामनाथु..

हात जोणु पायीं पोणु आमी सन्निधानांतू
राक देवा पांव आमकां कष्टसंकटांतू (रामनाथु..

शांतेरी कामाक्षी सहित रामनाथु शोभता
शरणार्थीचेर देवु प्रसन्न आसता (रामनाथु..

पूर्विकांक म्हालगड्यांक मेळ्ळी तुगेली कृपा
नात्रांचेय वयरी जाय तुगेली करुणा (रामनाथु..

कुलदेवो प्रसीदतू ! रामनाथो प्रसीदतू !
शांतेरी प्रसीदतू ! कामाक्षी प्रसीदतू !
प्रसीदतू प्रसीदतू ! प्रसीदतू प्रसीदतू !

- *Included in the AudioCD -* श्री कुलदेवता प्रसन्ना

शरतचंद्र शेणै

ईश्वरविश्वासु

ईश्वरविश्वासु धीरु वाड्डयता
अशुभ विचारांक दूरा धांवयता
वाट दाकयता, मेट चडयता,
संसारसागरु पार करयता!

शुभाप्तिविश्वासु मित्र सदांचो
सगळी वाट सांगात दिवंचो
आशेचीं किरणां, भावीचीं सपनां,
आमच्या मनांतु सदैव फुलावंचो!

आत्मविश्वासान पावल दवोरका
आकुलचिंतन दूरा उडोवंका
स्वताचे श्रमान सार्थक जीवन
ध्येय मेळोवंका! श्रेय मेळोवंका!

- *Audio available at this link: https://youtu.be/kUSfnsLuy_0*

फुला

फुला फुला, तूं जन्मल्या
दीसु हो सुंदर केला
फूल फुलूनु परमळेल्या
जगाक आनंदु जाला (फुला..

मंदस्मितपूर्ण मुखामळान
प्रफुल्ल कांतीचे प्रसन्नतेन
येता वतल्यांक धोरनु राबयले
चित्तवित्त तांचें तुवें चोरलें (फुला..

सुगंधपूरित केलें आंगण
घरा शेजारान तुजें गुणगान
देवालया लागी पावले वरीन
हात जोडूनु वताय जन (फुला..

बावूनाका आतां सांज जातना
गळूनाका आतां दीसु सरतना
धन्य गो तुगेलो जन्मु फुला
सर्व क्षणिक म्हूण सांगूनाका (फुला..

राधा –कृष्ण

राधाः खंयी एक गोपिकेक चोवनु कृष्णु हासलो जाल्यार
खंयी तिजे लागी एक उतर ताणें म्हळें जाल्यार
राधेलें तोंड बावलें! राधेलें तोंड बावलें!
दोळ्यांतु दुःख आयलें, राधेलें तोंड बावलें!

कृष्णः खंयी एक गोपिकेक चोवनु कृष्णु हासलो तरी
थंय ताजे मनांत आसा मूर्ती एकि राधिकेची
कित्या तिजें तोंड बावलें? कित्या तिजें तोंड बावलें?
कित्या ते दोळे भरले? कित्या तिजें तोंड बावलें?

कृष्णः कृष्णाक प्रियकरी एकि ती राधा
तागेले मनांतू वेगळी कोणय ना!

राधाः तिजे लागी एक गोड उतर ताणें सांगलें ना
मुरळीगान तिजे खातीर ताणें केल्लें ना!

कृष्णः तागेलो हासु सगटांक, तागेलो प्रेमू राधेक!
ताजे मनांतु, दिसूय राती, सखी राधेची एकीच मूर्ती!

राधाः खंयी एक फूल कोणय ताजे हातांत दिलें जाल्यार
राधेलें तोंड बावलें! राधेलें तोंड बावलें!
दोळ्यांतु दुःख आयलें, राधेलें तोंड बावलें!

राधाः आपण्याले मनांतू आसा तरी प्रेमू
राधे लागी तें कृष्णु सांगना मू!

कृष्णः प्रेमळ उतरां सांगूक कृष्णाक कळना मू!
तागेले दोळे तिका सर्वयि सांगताय मू!

राधाः असले दोळे कृष्णाले, गोपिकेचे मन फारचे!
दोळे पळयले, मन उड्डलें, सपनांतुल्या गांवांतु पावलें!

कृष्णः अशी ते राधिकेक प्रेमू ताजेर आसा जाल्यार
कित्या तिजें तोंड बावलें? कित्या तिजें तोंड बावलें?
कित्या ते दोळे भरले? कित्या तिजें तोंड बावलें?

'श्रीकृष्णलीला' ह्या नृत्य-संगीत नाटकांतुलो गींत
('राधा कैसे ना जले' ह्या हिंदी सिनेमा गीताचेर आधारित)

- *Video available at this link:* https://youtu.be/hvdBlPA6o7k

घराकडे (बालगीत)

गीतसरोवर

घरां भित्तरी घरा भोवंतणी रे पोळोवया
फिदरांतूं मैदरांतूं इत्तें इत्तें चोवूया
दोळ्यांनी देकूया
कान्नांनी आयकूया
तें जावनु आमी मेळनु एकु गींतु म्होणूया

हें माजरे पील दूद पित्ता दोळे धांकूनू
तें विंदरा चिवणें भोवंता हांगा थांगा हुंगूनू
सूण्या कुत्तीरो रे
येता आंगारी रे
वासूर हांबेता हांबेता गाये सोदूनू

केळीचे पान्नारी बेसल्ली कायळी नांचता
रूका खांद्यारी एकि चान्नी फळं सोदीता
पाक्की फुल्लांची
उब्बता अशी तशी
हुंकारु काणू एकु भोवोरू रे घुवंता

शरतचंद्र शेणै

एक दोनि तीनि (बालगीत)

गीतसरोवर

एक दोनि तीनि पुता, लेक शीक रे
एक आनी एक मेळनु दोनि जाताय रे
एक आमकां नांक जाल्यार दोळे दोनि रे
दोनि हात दोनि पाय दोनि कान रे
एक आनी दोनि मेळनु तीनि जाताय रे
नारलु सोलिल्यारि ताका तीनि दोळे रे
एका लागी तीनि जोडून चारि जाताय रे
चारि दिशा कशी तुजे चारि तांतूं रे
एक आनी चारि मेळनु पांच जाताय रे
एक हाताक पांच बोट मेजून चोय रे

पांच जावनु मुकारि तूं मेजून शीक रे
स, सात, आट, णव, धा पर्यंत रे
स पाय षड्पदांक एक लेक रे
सात वर्ण पावसाचे धोणवाक रे
आटपायांचाक चोय, आट पाय रे
नवग्रहांत आसाय णव जाण रे
पांच आनी पांच मेळनु धा जाताय रे
दोनि हात मेळनु तुका धा बोटां रे
एक दोनि तीनि चारि पांच मेजि रे
स, सात, आट, णव, धा पर्यंत रे

शरतचंद्र शेणै

शरतचंद्र शेणैलीं पुस्तकां -

- अंतरनाद (केन्द्रीय साहित्य अकादेमी पुरस्कार प्राप्त काव्यसंग्रह)
- आत्मायन (डॉ. टी.एम.ए. पै प्रतिष्ठान पुरस्कार प्राप्त काव्यसंग्रह)
- इदं न मम (विश्वकोंकणी कविता कृती पुरस्कार प्राप्त काव्यसंग्रह)
- श्रीकृष्णकथासुधा (अष्टोत्तरशतश्लोकी काव्य)
- मीरा, जीवन आनी कवन (देवकी कृष्ण ट्रस्ट पुरस्कार प्राप्त परिभाषा)
- रसिक रसायन (संस्कृती आनी साहित्य संबंदी लेखनांचो संग्रह)
- श्रीवेंकटेश सुप्रभात (परिभाषा)
- परणें घर (बालसाहित्य)
- अनिश्चित (नवलिका)
- लोकधन (केरळांतुल्या कोंकणी लोकसाहित्याची वळख)
- गीत सरोवर (भावगीत, भक्तिगीत आनी बालगीत)
- कोंकणी सचित्र प्राथमिक (भाषासहायी)
- साहित्य संकलन (संपादित साहित्य संग्रह)
- काव्योद्यान (संपादित कविता संग्रह)
- साहित्यदीप्ति (संपादित साहित्य संग्रह)
- नंदादीप (संपादित साहित्य संग्रह)
- अक्षरगीता (गीताश्लोकांतुल्यान देवनागरीचो परिचय)
- കൊങ്കണി ഭാഷാ പഠന സഹായി (पदावली सहित भाषासहायी)
- മലയാളം കൊങ്കണി ക്രിയാപദാവലി (क्रियापदावली)
- കൊങ്കണി നമ്മുടെ മാതൃഭാഷ (लघुपदावली)
- പൊൻതിരി (कोंकणी काण्यांची परिभाषा)
- Script, A Scientific Contemplation (Essays from Konkani)
- Saga of the Uprooted (*Khanda Kavya* from Konkani)
- A Handbook for writing Better Konkani (with a Vocabulary)